गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी - गोंय

पत्रक

**<u>नारी शक्ती पुरस्कारां खातीर अर्ज मागयल्यात</u>**

ता .१३ डिसेंबर २०१९

२२ मार्गशीष १९४१

नामनेच्या बायलांक, संघटणांक आनी संस्थांक "नारी शक्ती पुरस्कार" हो राष्ट्रीय पुरस्कार भेटोवन बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालय प्रत्येक वर्सा आंतरराष्ट्रीय बायलां दीस मनयता.

२०२० वर्सा ८ मार्चाक जावपी आंतरराष्ट्रीय बायलां दीसा ४० नारी शक्ती पुरस्कार भेटयतले. नामनेच्या आनी उत्कृश्ट कामगिरी करपी संस्थांक वा संघटणांक आनी व्यक्तींक हो पुरस्कार भेटयतले. प्रमाणपत्र आनी रोख रक्कम अशें ह्या पुरस्काराचें स्वरूप आसा.

पुरस्कारा खातीर नामांकन करूंक पात्रताय निकश सकयल दिल्ल्या प्रमाण आसा- पुरस्कार व्यक्ती आनी संस्थाक उकते आसतले. व्यक्तीगत गटांत नामांकन दिवपाच्या निमाण्या दिसा व्यक्तीची पिराय उण्यांत उणी २५ वर्सा आसूंक जाय. जर अर्ज करपी संस्था आसल्यार, तांणी संबंदीत क्षेत्रांत उण्यांत उणें ५ वर्सां काम केल्ले आसूंक जाय. बायलांच्या अर्थीक आनी सामाजीक सशक्तीकरणाच्या मळार खास करून असाधारण परिस्थितींत उत्कृश्ट कामगिरी केल्ल्या बायलांक/गटांक/संस्थांक/बिगर सरकारी संस्थांक नारी शक्ती पुरस्कार दिवपाक येता.

पात्र नामनेच्या बायलानी, संघटणांनी आनी संस्थांनी आपले अर्ज बायलां आनी भुरगी उदरगत मंत्रालयाच्या www.narishaktipuruskar.wcd.gov.in ह्या पोर्टला वयल्यान ७ जानेवारी २०२० मेरेन ऑन लायन धाडचे. फकत ऑन लायन अर्ज स्विकारतले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ प्रधु/ २०१९/ ८६०

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA